# कडुणांच्या सांठ्याची दिसपट्टी म्हायती नागरी पुरवण खात्याक दिवपाची सक्ती

ता. 07 सप्टेंबर 2022

जीणेगरजेचे जिन्नस कायदो 1955 च्या कलम 3 (एच) आनी (आय) च्या फाटभूंयेर गोंय राज्यांतले सांठवणूकदार, अन्नधान्य विक्रेते, वेपारी, उत्पादक, प्रक्रियादार आनी आयातदारांनी आपल्याकडेन आशिल्ल्या तुर, उडीद, मसूर, मुग आनी चणे ह्या कडुणाच्या सांठ्याची म्हायती प्रत्येक दिसा संबंधीत तालुक्यातल्या नागरी पुरवण खात्याच्या निरीक्षकाक दिवपाची गरज आसा, अशें नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान कळीत केला.

तशेंच तांणी प्रत्येक सप्तकात आपल्या कडेन आशिल्ल्या कडुणाच्या सांठ्याची म्हायती केंद्र सरकाराच्या गिरांयक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयाच्या URL:https://fcainfoweb.nic.in/psp ह्या पोर्टलाचेर अपलोड करपाक जाय. वेवसायिकांनी ह्या पोर्टलाचेर नोंदणी करून आयडी आनी पासवर्ड तयार करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/506

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji